युजीसी – एनईटी खातीर नांव नोंदणी करपी विद्यार्थ्यां खातीर मार्गदर्शन सत्र

पणजीः ता. ०८ ऑक्टोंबर २०१८ आश्विन १६, १९४०

इत्सूक एनईटी उमेदवारांनी पयल्या मार्गदर्शन सत्राची खूप तोखणाय केल्ली आसा. उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या मार्गदर्शन कार्यावळींतल्यान २३उमेदवार युजीसी – एनईटीत उत्तीर्ण जाले.जे विद्यार्थ्यी एनईटी उत्तीर्ण जावंक ना तांका उच्च शिक्षण संचालनालयान एनईटी मार्गदर्शन सत्रां घेवची अशी विनंतीकेल्या. ते खातीर, राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी वतीन डिसेंबर २०१८ त आयोजीत जावपी युजीसी – एनईटीत खातीर नांव नोंदणी करपी उमेदवारां खातीर एनईटी मार्गदर्शन कार्यावळ चालू दवरपाचो संचालनालयाचो प्रस्ताव आसा. इत्सूक उमेदवारानी उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन घेवपांत येवपी एनईटी मार्गदर्शन सत्रांत वांटेकार जावपाक https://goo.gl/forms/PjnsvVKLMervZLGp2 ह्या गुगल लिंकाचेर पुराय माहिती दिंवची.

पुराय माहिती भरुन सुपुर्द करपाची निमणी तारीख १२ ऑक्टोबर २०१८ जावन आसा. निमणे तारखे उपरांत दिल्ले अर्ज विचारांत घेवचे नात. पदव्युत्तर अभ्यासक्रमाच्या निमण्या वर्साक आशिल्ले विद्यार्थीय हे खातीर अर्ज करुं शकता. विद्यार्थ्यां मदीं फाव आशिल्ली शिस्त आनी गंभीरताय येवची म्हण संचालनालयान एनईटी मार्गदर्शन कार्यावळींत नांव नोंदणी करपी नांवां पुरते शुल्क लागू करपाचें थारायला.

सामान्य गटा खातीर नोंदणी शुल्क रु. १०००/-, एससी/एसटी/पीएच रु. ५००/-, विद्यार्थ्यांक रु. २५०/- आनी एससी/एसटी/पीएच विद्यार्थ्यांक रु. १५० /-. उत्तर आनी दक्षिण गोंयच्या विद्यार्थ्यां खातीर दर एका पेपरांत-१ अशी एकूण ६ मार्गदर्शन सत्रांचे खेरीत आयोजन करतले. विद्यार्थी पेपर २ चेरूय मार्गदर्शन मेळोवंक शकता. कार्यक्रमाची सविस्तर माहिती www.dhe.goa.gov.in हाचेर अपलोड केल्ली आसा.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/अगा/सुना/ २०१८/१६३२